# म्हार्दोळ हांगा शास्त्रीय नृत्य महोत्सव

ता. 15 फेब्रूवारी 2018

26 माघ 1939

गोवा कला अकादमीन पश्चिम विभाग सांस्कृतीक केंद्र, उदयपूर आनी श्री महालसा संस्थान म्हार्दोळ हांच्या विद्यमान ता. 16 ते 18 फेब्रूवारी मेरेन श्री महालसा देवस्थान प्राकारात तीन दिसाच्या शास्त्रीय नृत्य महोत्सवाचे आयोजन केला. ता. 16 फेब्रूवारीक सांजेच्या 7.00 वरांचेर कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तूकीं श्री महालसा देवस्थानचे अध्यक्ष श्री. विनोद कामत हांचे उपस्थितीत महोत्सवाचे उक्तावण जातले.

महोत्सवात नामनेची नृत्यांगना श्रीमती दिपाली विचारे, श्रीमती राजेश्वरी कुमार (कथक), श्रीमती कविता मोहंती, तशेंच नृत्य संकुल मडगांव आनी कला अकादमीच्या विद्यार्थ्यांवतीन भरत नाट्यम आनी कथक नृत्याचो कार्यक्रम जातलो.